**कोवीड म्हामारीच्या काळांत  कंत्राटी पद्दतीचेर नेमणूक केल्ल्या कर्मचाऱ्यांबाबतीत निर्देश**

ता. 4 एप्रिल 2022

कोवीड म्हामारीच्या काळात गोंय सरकारान नियुक्त केल्ल्या कंत्राटी कर्मचाऱ्यांच्या बाबतीत मुख्यमंत्री डॉ. प्रमोद सावंत हांणी निर्देश जारी केल्यात.

मुख्यमंत्र्यान स्टाफ नर्सी, टेक्नीशन, मल्टी-टास्किंग स्टाफ (MTS) आनी हेर कर्मचार्‍यांनी कोवीड म्हामारीच्या काळांत समर्पितपणान केल्ल्या  सेवेची तोखणाय केल्या.  म्हामारीच्या काळांत ह्या लोकांनी कठीण परिस्थित उत्कृश्ट सेवा दिली. तांची सेवा ही खऱ्यानीच उल्लेखनीय आसा, अशें मुख्यमंत्र्यांन नमूद केले.

कंत्राटी कर्मचाऱ्यांच्या कराराचो कार्यकाळ कांय दिसांनी सोंपता. पुण, ज्या अधिकाऱ्यांनी स म्हयन्यांपरस चड काळ कंत्राटी पद्धतीन सेवा केल्ली आसा आनी अशां अधिकाऱ्यांनी समर्पित आनी प्रामाणिकपणान केल्ली सेवा  लक्षात घेवन तांच्या कराराची मुदत आनीक एका वर्सा खातीर वाडोवची, अशें निर्देश मुख्यमंत्र्यांन दिल्यात. येणाऱ्या काळात नियमित पदां भरतना ह्या उमेदवारांक प्राधान्य दिवपात येतले, अशेंय तांणी सांगलें.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2022/225

--

Issued by Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity
3rd Floor, Udyog Bhavan,
Near Azad Maidan, Panaji